**वीज पुरवण खंडित जावपाची समस्या सोडोवपाक वीज खातें गांभीर्यान प्रयत्न करता-वीजमंत्री**

ता. 4 सप्टेंबर 2023

राज्यांतली वीज पुरवण परत परत खंडित जावपाची समस्या सोडोवपा खातीर वीज खातें गांभीर्यान प्रयत्न करता, अशें वीजमंत्री श्री . रामकृष्ण उर्फ सुदिन ढवळीकर हांणी आयज बायणा-वास्को हांगा दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान आयोजीत जनता दरबारात उलयताना सांगलें.

राज्यांतल्या दर्यादेग, रानां वाठांर आनी शारांनी जमनी पोंदच्यान वीज केबल घालपाचे काम चालू आसा आनी ताकां लागून वीज पुरवण खंडित जावपाची समस्या बऱ्याच प्रमाणात कमी जातली. राज्यांत सौरऊर्जा येवजणेवरवीं 43 मेगा वॅट वीज निर्मिती जाता आनी 2030 मेरेन ती 150 मॅगा वॅटमेरेन वाडोवपाची सरकाराची येवजण आसा, अशें श्री. ढवळीकर हांणी सांगलें.

श्री. ढवळीकर हांणी जनता दरबारात विविध प्रस्नांचेर लोकांच्यो कागाळीं आयकून घेतल्यो. जनता दरबार सारख्या उपक्रमाक लागून लोकांक आपल्यो समस्यां सरकारामुखार मांडपाक मेळटा आनी संबंदीत सरकारी अधिकाऱ्यांकडेन चर्चा करून त्यो सोडोवपाक येता, अशें तांणी सांगलें.

लोकांनी वास्कोच्या वाठारांतले कोळशाचे प्रदूशण, रस्त्यांवयले अतिक्रमण, बेकायदेशीर बांदकामां, कोयराचे वेवस्थापन, रस्तो सुरक्षा, लायटीचे खांबें आनी हेर समस्यां मंत्र्यामुखार मांडल्यो. मंत्र्यान संबंदीत अधिकाऱ्यांक लोकांच्यो समस्यां सोडोवपाक पावलां उबारपाचें निर्देश दिले.

वास्को वाठारांत जमनी पोंदच्यान उच्च दाबाचे वीज केबल घालपाच्या कामाक रोखडीच सुरुवात करतले, अशीय म्हायती तांणी दिली.

जनता दरबाराक आमदार श्री. कृष्णा उर्फ दाजी साळकार, श्री.संकल्प आमोणकार, जिल्हाधिकारी दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अश्विन चंद्रू, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. दीपक देसाय आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/695

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.